आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

राष्ट्रीय खबरो

Date: 12/09/2025 6.30 PM

75

सी.पी. राधाकृष्णन हाणी भारताचे 15वे उपराष्ट्रपती म्हूण सोपूत घेतलो . राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी तांका पद आनी गोपानीयतेचो सोपूत दिलो. ह्यावेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद, आदले उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड आनी हेर केंद्रीय मंत्री हाजीर आशिल्ले.

मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी घरमंत्री अमित शहा हांणी उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हांका परबी दिल्यात. सी.पी. राधाकृष्णन हाणी राष्ट्र निर्मिती, समाजसेवा आनी लोकशाय मुल्यां घटमूट करपाक आपलें जिवीत ओंपलां अशें सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्रांनी म्हळा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज नवी दिल्लींत जाल्या ज्ञान भारतम आंतरराष्ट्रीय परिशदेंत वांटो घेतलो . हातबरपांचे डिजिटलीकरण, संवर्धन आनी भौशीक प्रवेशाक गती दिवपा खातीर समर्पीत डिजिटल प्लॅटफॉर्म ज्ञान भारत पोर्टल चालिक लायले. प्रधानमंत्रीय ह्या निमतान मेळाव्याक संबोधित करतले.” हस्तलिखित दायजा वरवीं भारताचें गिन्यान दायज परत मेळोवप “ ह्या विशयाचेर काल तीन दिसांच्या परिशदेची सुरवात जाली.

८५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन 15 तारखेमेरेन मिजोरम, मणिपूर, आसाम, अस्तंत बंगाल आनी बिहाराक भेट दितले. मिजोरम भेटी वेळार ते नव्या बैराबी-सैरांग रेल्वे प्रकल्पाचें उक्तावण करतले. हेवीशी मिझोरामाचे राज्यपाल आनी आदले केंद्रीय मंत्री व्ही.के.सिंग हांणी म्हायती दिली.

मणिपूर भेटी वेळार ते 8,500 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. उपरांत आसाम भेटी वेळार प्रधानमंत्री डॉ भूपेन हजारिका हांच्या शंबरव्या

जयंतीच्या उगडासाक गुवाहाटींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत वांटो घेतले. तशेच बिहाराक भेट दिवन पूर्णिया विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचेंय ते उक्तावण करतले.

मजगती ईशान्य भारत देशांचो मुखेल भाग कसो जावपाक लागला तेंविशी म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी बरयल्लो लेख आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शेअर केला.

55

भारतीय तटरक्षक दळ आयसीजीन जागतीक दर्यावेले प्रशासन घटमूट करपाक आनी सुरक्षीत, नितळ आनी चड सुरक्षीत दर्या खातीर अजेंडा तयार करपाक भारताच्या वचनबद्धतायेची परतून पुष्टी केल्या. रोमांत सुरू जाल्ल्या दोन दिसांच्या कोस्ट गार्ड वर्ल्ड समिटांत भारतान वांटो घेतिल्लो. आयसीजीन 2027 वर्सा भारतांत जावपी पांचव्या कोस्ट गार्ड संवसारीक शिखर सभेच्या अध्यक्षपदा खातीर बोली लावपाचो आपलो हेत जाहीर केला.

35

देशांतल्या 140 कोटी नागरिकांक आपल्या वांगडा घेवन सरकार पुराय वचनबद्धतायेन मुखार वता अशें केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी म्हणला.(bytes 39 sec) झारखंडाच्या उदरगती खातीर आपलें मंत्रालय पुराय वचनबद्धतेन वावुरता अशें ताणी मुखार सांगलें.

55

माल आनी सेवा कर म्हळ्यार जीएसटीतल्या नव्या सुदारणां खाला सरकारान सामान्य मनशाक उपेगी जायत्या वस्तूंचेर सुट दिवन म्हत्वाचें पावल उबारलां. हेवीशी निमिश जैन हांणी सांगलें.

मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी काल आकाशवाणी पणजी केन्द्राक भेट दिली. सरकारान सुरू केल्ल्यो म्हाल आणि सेवा कर सुधारणा २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी करपाक सज्ज आसात. हेच विशी गोय आणि गोयकारांक जावपी फायदो आणि अधिक माहिती जाणून घेवपाक आकाशवाणीच्या खबरा विभागा वतीन मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हांची मुलाखत घेतली. सुधारित GST चो सर्व सामान्य मनशांक 100 टक्के लाव जातलो अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. ही मुलाखत तुमका शेनवार आणि आयतारा सकाळी साडेसात वरांचेर आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर आयकुपाक मेळटली.

भारत हवामान खात्यान फुडल्या तीन ते चार दिसांत मराठवाडा आनी ईशान्य राज्यांनी चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .तशेच  अस्तंत बंगाल, कर्नाटक, लद्दाख, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात आयज जोगला सयत  वादळी पावसाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

उझबेकिस्तानांतल्या समरकंदांत जाल्ल्या फिडे ग्रॅण्ड स्विस बुध्दिबळाच्या सातव्या फेरयेंत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर निहाल सारीन हाणें इराणाच्या परम मघसूदलूक हारयलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर